<u>राश्ट्रीय खबरो</u>

9 जुलय 2026 6.30 वरां

पीएम 115

भारत आनी ऑस्ट्रेलिया हांणी युरेनियम पुरवण आनी समर्पीत महत्वाच्या खनिज कॉरिडोराचेर इतिहासीक समजुकायेच्या करारांचेर सयो केल्यात.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी तांचे ऑस्ट्रेलियन समपदस्थ अँथनी अल्बानीज हांणी आयज मॅलबर्नांत आयोजित केल्ल्या तिसऱ्या ऑस्ट्रेलिया भारत वर्सुकी फुडारी शिखर परिशदेंत वांटो घेतलो. ह्या वेळार तांच्यांनी द्विपक्षीय संबंद अदिक घटमूट करपाच्या उद्देशान शिश्टमंडळ स्तराचेर चर्चा केली. शिखर परिशद सोपल्या उपरांत व्हिक्टोरियाच्या गव्हर्मॅण्ट हावजांत दोनुय प्रधानमंत्र्यांनीं जोड पत्रकार परिशद घेतली.

दोनुय फुडाऱ्यांनीं द्विपक्षीय संबंधातल्या महत्वाच्या बदलांक येवकार दिलो आनी प्रादेशिक स्थिरताय, ऊर्जा, संरक्षण आनी तंत्रगिज्ञान नवनिर्माणा खातीर सहकार्य आराखड्याक निमणें रूप दिलें.

इंडो-पॅसिफिक वाठारांत शांतिकाय आनी स्थैर्य सुनिश्चित करपाच्या उद्देशान दोनूय देशांनीं संरक्षण सहकार्याच्या इतिहासीक जोड घोशणा पत्राचेर सयो केल्यो. हें विशीं उलयतनां प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

पीएम मेलबर्न 105

भारत 21व्या शेकड्यांतलो विकसीत राश्ट्र जावपाच्या उद्देशाचे दिकेन वाटचाल करता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हणलां.

आयचो भारत हो अदीक प्रगता करपाच्या आनी अदिक येस मेळोवपाचेर विश्वास दवरपी देश आसा अशें देशाच्या आकांक्षांचेर भर दितनां प्रधानमंत्र्यांनी नमूद केलें. मेलबर्नांतल्या एका सामाजीक कार्यावळींत उलयतनां प्रधानमंत्र्यांनीं ह्या पयलीं सिडनींतल्या भारतीय समुदायाच्या वांगड्यां वांगडा जाल्ले भेटेचो उगडास काडलो आनी मेलबर्नांतल्या लोकां वांगडा संवाद साधपाक आपूण उत्सुक आशिल्ल्याचें म्हळें.

संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो क्रिकेट स्टेडियम आशिल्लो अहमदाबाद आनी आपल्या नामनेच्या क्रिकेट मैदाना खातीर प्रसिध्द आशिल्लो मेलबर्न हें भारत आनी ऑस्ट्रेलिया हांचे मदल्या खेळ आनी संस्कृतिक बंधांचें प्रतिक आसा अशें दोनूय देशांतल्या घट संबंधांचेर उजवाड घालतनां प्रधानमंत्री मोदी हांणीं सांगलें.

राश्ट्रपती   50

उपराश्ट्रपती सी पी राधाकृश्णन हांणी भुवनेश्वरांतल्या ओडिशा शेती आनी उद्देगीक विद्यापीठांत उक्त्या दर्यांतल्या नुस्त्या संपत्तीच्या शास्वत उपेगा खातीर राश्ट्रीय अभियानाचें उक्तावण केलें. निळ्या अर्थवेवस्थेक राश्ट्रीय समृध्दीचें परिवर्तनकारी इंजिन अशें वर्णन करून तांणी तरणाट्यांक आधुनीक, तंत्रगिन्यानाचेर आदारिल्ली नुस्तेमारी आनी दर्यावेलो वेवसाय ‘विकसीत भारताची आधारशिळेच्या रूपान आपणावपाचो उलो तांणी मारलो.

भारत अफगाण 70

भारत अफगाणिस्तानाची जोड समितीची चवथी बसका आयज नवी दिल्लींत जाली. हातूंत मानवतावादी मदत, उदरगत भागिदारी, अन्न सुरक्षा, भलायकी सेवा, क्षमता बांधणी, शिक्षण, खेळ, वेपार, व्हिजा आनी संपर्क वेवस्था हांचे सयत द्विपक्षी. संबंधाच्या सगळ्या बाबतींत नियाळ घेतलो.

बसकेची सह अध्यक्षता विदेश मंत्रालयाचे जोड सचिव एम आनंद प्रकाश आनी अफगाणिस्तानाचे विदेश मंत्राल.चे महा संचालक शुएब बरयालाई हांणी केली.
अफगाणाचे वाटेंतल्यान वेगवेगळ्या मळावेल्या भारताच्या सेगीत सहकार्याची आनी समर्थनाची तोखणाय केली.

इराण 80

भारताचे दिकेन येवपी एलपीजी टँकर इराणाच्या क्षेपणास्त्र हल्ल्यांत बाधित जाल्ल्याचो समाज माध्यमांवेल्यान पसरिल्लो दावो सरकारान भायरायला. 'प्रेस इन्फॉर्मेशन ब्युरो'च्या फॅक्ट चॅक विभागान हो दावो फटीचो आशिल्ल्याचें म्हणलां.

सध्या शॅर जाता ती प्रतिमा पोरनी आसा आनी ती फाटल्या वर्सा येमेनाच्या एडेन दर्यादेगे लागसारच्या MV Falcon ह्या कॅमेरूनचो ध्वज आशिल्ल्या एलपीजी टँकराच्या स्फोटा उपरांत लागिल्ल्या उज्या कडेन संबंधीत आशिल्ल्याचें पीआयबीन स्पश्ट केलां. नागरिकांमदीं भंय पातळावपी आनी चुकीची म्हायती पसरोवपी अप प्रचार करपी खात्यां पासून सावध रावपाचो सल्लोय तांणा नागरिकांक दिला.

ग्रॅण्डमास्टर 70

भारतान आपल्या शंबरव्या ग्रॅण्डमास्टराचे दिकेन काल गती मेळयली. 2026 वर्सा पुणे आंतरराष्ट्रीय ग्रॅण्डमास्टर राउंड रॉबिनांत निमाणो जीएम नॉर्म मेळोवन कन्याकुमारीचो 17 वर्सां पिरायेचो अश्वथ एस हाका देशांतलो अठ्ठ्याण्णवदावो ग्रॅण्डमास्टर जावपाचो मान मेळ्ळो.

निमाण्या फेरयेंत जैताची गरज आशिल्ल्यान अश्वथ हांणीं अमेरिकेच्या एफएम कन्नन वैद्यनाथनाक काळ्या मोहऱ्यांनीं हारयलो आनी ग्रॅण्डमास्टर खिताबाची गरज पुराय केली. णव्वे फेरयेंतल्यान ७ गूण मेळोवन ताणें सर्त सोंपयतना स जैतां, दोन बरोबरी आनी एक हार नोंद करून दुसरो क्रमांक मेळयलो.